# <u>गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळाच्या बसकेत 229 कोटी गुंतवणूकीच्या प्रकल्पांक मंजूरी</u>

ता. 29 नोव्हेंबर 2018
8 मार्गशीर्ष 1940

गोंय गुंतवणूक प्रोत्साहन आनी सुविधा मंडळाची 22 वी बसका फाटल्या ऑक्टोबर म्हयन्यात जाली. हया बसकेत 229 कोटी गुंतवणूकीच्या आनी 366 रोजगार निर्मितीच्या काय प्रकल्पांक मंजूरी दिली. वियाना डिझाईन हॉटेल्स, लांटबार्से ब्रेव्हरीस, जीनो फार्मास्युटिकल्स, हयुगीस प्रेसिजन मॅन्युफॅक्चरींग, मिनको इंडिया फ्लो इलेमेंटस्, सिमेन्स, टाटा कंन्सल्टंसी सर्व्हिसीस हया प्रकल्पांचो आस्पाव आसा.

बसकेत हया पयली मंजूरी दिल्ले दोन प्रकल्प रद्द करपाची प्रक्रिया सुरू करपाचोय निर्णय घेतलो. गोंयाखातीर नवीन गुंतवणूक धोरणाचो मसूदो तयार करपाखातीर कंन्सल्टंट नेमपाचोय बसकेत निर्णय घेतलो.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1774